# Sample Paper
# &
# Question Paper Pattern

2022
**2023**

# GOA BOARD

aglasem.com

**गोंय बोर्ड शालांत मंडळ**

| | | |
|---|---|---|
| **विशय- कोंकणी ( तिसरी भास)** | **Model Question Paper** | **गूण- 40** |
| **यत्ता: धावी** | **2022-23** | **वेळ- 90 मि. (1½ वर)** |

---

**1) जाणटेल्याच्या शेजाऱ्यान गांठीक मारिल्ली सपनां करपून गेली कारण --------------.** **(1)**

A. ताचे पूत गांव सोडून गेले.

B. ताचे पूत घर सोडून गेले.

C. ताचे पूत तवनास जाले.

D. ताचे पूत परदेशांत गेले.

**2) आपल्या सपनांक आकार दितली जाल्यार --------------.** **(1)**

A. आपूण हरियाणाची अशें परतून परतून सांगूक जाय अशें कल्पनान चितलें.

B. अमेरिकेच्या विद्यापिठांत शिक्षण घेवंक जाय अशें कल्पनान चितलें.

C. पयल्यांत पयलीं अवकाशांत वचूंक जाय अशें कल्पनान चितलें.

D. आपणें भारतांत रावंक जाय अशें कल्पनान चितलें.

**3) बाबूमाम नव्या सोमाराची संद पळोवन --------------.** **(1)**

A. देवाक पयल्या पणसुलाचो निवेद दाखयतालो.

B. सोयऱ्यांक आपोवन तांकां दितालो.

C. बाजारांत व्हरून विकतालो.

D. घरांत बसून घरे रूचीन खातालो.

**4) बरोवपी फादर फ्रेडी इश्टावांगडा मडगांवा गेल्लो कारण --------------.** **(1)**

A. गोंय मुक्ती दीस मनवचेपासत थंय लोक जमपाचे आसले.

B. राष्ट्रीय एकता दीस मनवचेपासत थंय मंत्री येवपाचे आसले.

C. अस्मिताय दीस मनवचेपासत थंय एक व्हडली जमात भरपाची आसली.

D. भारत मुक्ती दीस मनवचेपासत थंय लोक येवपाचे आसले.

**5) हालिंसराक ही गजाल एक इतिहास जावन गेल्या. हे विधान खंयच्या पाठांतलें.** **(1)**

A. आमचो वावर आनी आमचे जमनीची गिरेस्तकाय

B. बाबुमामालो पणस

C. हांसतें हॉलंड

D. अवकाशविरांगना कल्पना चावला

**6) शिकोवन सवरुन ल्हानाचो व्हड केलो. हे विधान खंयच्या पाठांतलें.** **(1)**

A. चुकिल्ली वाट

B. बाबुमामालो पणस

C. हांसतें हॉलंड

D. हो वसो आयलो कसो?

docs.aglasem.com

aglasem.com

7) **ताळो सामकोच सुकून आयला. हे विधान खंयच्या पाठांतलें.** (1)

A. आमचो वावर आनी आमचे जमनीची गिरेस्तकाय

B. चुकिल्ली वाट

C. हो वसो आयलो कसो?

D. अवकाशविरांगना कल्पना चावला

8) **“तूं चलूंक लाग हांगासल्लो.” हे विधान कोणें कोणाक म्हणलां.** (1)

A. बल्ब फोडपी तरणाटयान जाणटेल्याक म्हणलें.

B. शेजाऱ्यान जाणटेल्याक म्हणलें.

C. गाडयाभायर चकाटां मारपी भुरग्यान जाणटेल्याक म्हणलें.

D. गोरवां राखण्यान जाणटेल्याक म्हणलें.

9) **“एक भारतीय म्हूण तुका कितें दिसता?” हे विधान कोणें कोणाक म्हणलां.** (1)

A. भारतीय अधिकाऱ्यान कल्पनाक म्हणलें.

B. एलीसन ओनीसुकान कल्पनाक म्हणलें.

C. भारताचे राष्ट्रपतीन कल्पनाक म्हणलें.

D. भारतीय पत्रकारान कल्पनाक म्हणले.

10) **“साब, फोटो खिंचना है?” हें विधान कोणें कोणाक म्हणलां.** (1)

A. भोंवडेकारान फोटोग्राफराक विचारलें.

B. फोटोग्राफरान हॉलंडाच्या लोकांक विचारलें.

C. बोट चलोवप्यान फोटोग्राफराक विचारलें.

D. फोटोग्राफरान भोंवडेकाराक विचारलें.

11) **“आता रातूय बरीच जाल्या.” हें विधान कोणें कोणाक म्हणलां.** (1)

A. राजनान सत्यवतीक म्हणलें.

B. हेलनान कामणे मावशेन म्हणलें.

C. राजनान हेलनान म्हणलें.

D. रामनाथान राजनाक म्हणलें.

12) **शेतांत वावर केल्ल्यान भलायकेक कसलो फायदो जाता? हया प्रस्नाची योग्य जाप** (1)

A. मनीस बारीक शिडशिडीत उरता.

B. आमचे आंग बरे खेळना.

C. कुडीक फावो ती कसरत मेळ्ळून भलायकी बरी उरता.

D. मनशाक बरी न्हीद पडटा.

docs.aglasem.com

aglasem.com

**13)** **हॉलंडांक सायकलीचो देश अशें कित्याक म्हणलां? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

A. हॉलंडाच्या लोकांक आरोग्याची खूब चिंता आसा.

B. हॉलंडाच्या रस्त्यांनी गाडयांपरस सायकली चड दिसतात.

C. हॉलंडाच्या लोकांक सायकलींपरस गाडयो आवडटात.

D. हॉलंडाक सायकलीच्यो फॅक्टरी आसात.

**14)** **पुर्सो आनी गुरूजी रागारागान रामनाथागेर कित्याक आयले? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

A. तांकां भिण्डेल जाय आसले.

B. तांकां नाच पळोवपाचो आसलो.

C. तांकां निर्णय सांगपाचो आसलो.

D. तांकां कापसाचे गुठले दिवपाचे आसले.

**15)** **बाबूमामान भागेल्याक केल्लो हुकूम आयकनाफुडें पणसाक कितें जालें? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

A. पणसाक बाबूमामाचो राग आयलो.

B. पणसान पणसुलां ना दिवपाचें थारायलें.

C. पणसाक भागेल्याची तिडक मारली.

D. पणसाचे हात-पांय सामके लडलडले.

**16)** **ह्याच वेळार पारव्यां भिरें घोंटेरांक -------- वेंचता.** **(1)**

A. बडयो

B. सरयो

C. चुट्टयो

D. काडयो

**17)** **जिवीत भावा तुजें ----------- भरीन पिसो जावन भोंवशी.** **(1)**

A. गोडसाणेन

B. खारसाणेन

C. तीखसाणेन

D. कोडसाणेन

**18)** **आलतड तुका सोडटना रे --------- लागतालो.** **(1)**

A. दर्या

B. व्हाळ

C. वजरो

D. घसघसो

docs.aglasem.com

aglasem.com

**19) मांय ती तुका चड मोगाची संवसारांत तिचेविण आसत आसा कसली? हया वळीचो योग्य अर्थ (1)**

A. मांय बगर संवसारांत दुसरें काय व्हड ना.

B. मांय बगर आमच्यो आनिकूय खूब आस्ती आसात.

C. मांय बगर संवसारांत दुसरें काय ल्हान ना.

D. मांय लागून आमच्या जिवितांत सगळे नासता.

**20) पिकेवेल्या खर वतांत बागवता पिकीं शेतां. हया कवितेच्या वळीचो योग्य अर्थ (1)**

A. वतान शेत पिकतकूच ताची कणसां बागवतात.

B. वतान शेतांतलीं कणसां इबाड जातात.

C. शेत पिकून जातकच वत येता.

D. वतान शेतांतलीं कणसां पिकतात.

**21) हे सर्व व्यापका मळबा म्हज्या समेस्त पेल्याक तूं तुजी उंचाय दी. हया कवितेच्या वळीचो योग्य अर्थ (1)**

A. मळबासारकें ऊंच ऊंच वाडुया.

B. मळबाभसेन आमी आमची कीर्त वाडोवया.

C. मळबाभसेन आमी व्हड जावुंया.

D. मळबाकडेन आमी सर्त करूया.

**22) फुडें फाटी कठीण घाटी आसली जरी रात. हया कवितेच्या वळीचो योग्य अर्थ (1)**

A. फाटल्यान फुडल्यान मोटे फातर आसले तरी.

B. फाटल्यान फुडल्यान खडपां आसलीं तरी.

C. फाटल्यान फुडल्यान कांटे खुटे आसले तरी.

D. कसल्योय अडचणी आडखळी आयल्यो तरी.

**23) मनशाचें ध्येय कशें आसता? हया प्रस्नाची योग्य जाप (1)**

A. मनशाचें ध्येय लाख मोलाचें आसता.

B. मनशाचें ध्येय खूब म्हत्वाचें आसता.

C. मनशाचें ध्येय आडमेळयांचे आसता.

D. मनशाचें ध्येय भांगराचे आसता.

**24) 'तूं चल रे फुडें' ही कविता कोणें बरयल्या? हया प्रस्नाची योग्य जाप (1)**

A. ही कविता रमेश भगवंत वेळूस्करान बरयल्या.

B. ही कविता विजयाबाय सरमळकारान बरयल्या.

C. ही कविता व्ही.डी.सिल्वान बरयल्या.

D. ही कविता माधव बोरकारान बरयल्या.

docs.aglasem.com

aglasem.com

**25)** **आमी मांय मुखार कितें दाखोवंक जायना? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

A. आमचो राग दाखोवंक जायना.

B. आपले व्हडपण दाखोवंक जायना.

C. आमचो गर्व अहंकार दाखोवंक जायना.

D. आपले पयशे दाखोवंक जायना.

**26)** **शेतांत गोरवांचो हींड आसा. आडी मारिल्ल्या उतर वळखात** **(1)**

A. जातनाम

B. खासनाम

C. भावनाम

D. रासनाम

**27)** **रडप - हया उतराचे उरफाटो अर्थ** **(1)**

A. नाचप

B. गावप

C. हांसप

D. उडप

**28)** **काळोख - हया उतराचे विशेशण रूप** **(1)**

A. काळ

B. काळखी

C. काळखाय

D. काळोखसाण

**29)** **घटसाण - हया उतराचे विशेशण रूप** **(1)**

A. घट

B. घटाळ

C. घटाण

D. घटाय

**30)** **गिरेस्त - हया उतराचे भावनाम रूप** **(1)**

A. गिरेस्ता

B. गिरेस्ती

C. गिरेस्तपण

D. गिरेस्तकाय

docs.aglasem.com

aglasem.com

**31)** **कोडू - हया उतराचे भावनाम रूप** **(1)**

A. कोडूक

B. कोडसाण

C. कोडीक

D. कोडपण

**32)** **आवय- बापूय खूब कश्ट करून भुरग्यांक वाडयतात. - आडी मारिल्ल्या वाक्यप्रचाराचो अर्थ** **(1)**

A. हात दाखोवप

B. हातांत हात घालून रावप

C. रातीचे दीस करप

D. कपलार हात मारप

**33)** **अवनी त्या पसरकारा कडेन झगडले. आडी मारिल्ल्या वाक्यप्रचाराचो अर्थ** **(1)**

A. हातभार लावप

B. तोंडाक लागप

C. तडाक चलोवप

D. मार्गाक लागप

**34)** **कामेरें शेतांत काम करता. वाक्यांतले लिंग बदलात** **(1)**

A. बायल शेतांत काम करता.

B. दादलो शेतांत काम करता.

C. मानाय शेतांत काम करता.

D. शेतकार शेतांत काम करता.

**35)** **म्हाका आंबो जाय. वाक्यांतले वचन बदलात** **(1)**

A. आमकां आंबो जाय.

B. तांकां आंबे जाय.

C. तुकां आंबे जाय.

D. आमकां आंबे जाय.

**36)** **तूं मात ह्या भेसांत बरें दिसता. वाक्य न्हयकारी करात** **(1)**

A. तूमी मात ह्या भेसान बरीं दिसतात.

B. तूं मात ह्या भेसांत वायट दिसना.

C. हांव मात ह्या भेसांत बरें दिसना.

D. तूमी मात ह्या भेसांत बरीं दिसना.

docs.aglasem.com

aglasem.com

**37)** **शाबास! तुवें बेस बरी कविता म्हणली. अव्यय वळखात** **(1)**

A. संबंदी

B. जोड

C. उमाळी

D. क्रियाविशेशण

**38)** **हीं कणसां व्हरात आनी देवाक ओंपात. अव्यय वळखात** **(1)**

A. संबंदी

B. क्रियाविशेशण

C. जोड

D. उमाळी

**39)** **व्हाळांत लान बुरगे वाहवन वतालें. वाक्याचे शुध्दरूप** **(1)**

A. व्हालांत लान भुरगे व्हांवन वतालें.

B. व्हालांत ल्हान भुरगे वाहवन वतालें.

C. व्हाळांत ल्हान भुरगें व्हांवन वतालें

D. व्हालांत ल्हान बुरगे व्हांवन वतालें.

**40)** **न्हिदपाची हरियाणाच्या चाल लोकांमदी आंगणांत आसा रातचे. उतरांची योग्य मांडणी** **(1)**

A. रातचे आंगणांत न्हिदपाची चाल हरियाणाच्या लोकांमदी आसा.

B. हरियाणाच्या लोकांमदी रातचे आंगणांत न्हिदपाची चाल आसा.

C. आंगणांत रातचे न्हिदपाची चाल हरियाणाच्या लोकांमदी आसा.

D. हरियाणाच्या लोकांमदी आंगणांत रातचे न्हिदपाची चाल आसा.

*****************************************************************************

docs.aglasem.com

aglasem.com

**गोंय बोर्ड शालांत मंडळ**

**विशय- कोंकणी ( तिसरी भास)** **Answer Key** **गूण- 40**

**यत्ताः धावी** **2022-23** **वेळ- 90 मि. (1½ वर)**

---

**1) जाणटेल्याच्या शेजाऱ्यान गांठीक मारिल्ली सपनां करपून गेली कारण --------------.** **(1)**

C. ताचे पूत तवनास जाले.

**2) आपल्या सपनांक आकार दितली जाल्यार --------------.** **(1)**

B. अमेरिकेच्या विद्यापिठांत शिक्षण घेवंक जाय अशें कल्पनान चितलें.

**3) बाबूमाम नव्या सोमाराची संद पळोवन --------------.** **(1)**

A. देवाक पयल्या पणसुलाचो निवेद दाखयतालो.

**4) बरोवपी फादर फ्रेडी इश्टावांगडा मडगांवा गेल्लो कारण --------------.** **(1)**

C. अस्मिताय दीस मनवचेपासत थंय एक व्हडली जमात भरपाची आसली.

**5) हालिंसराक ही गजाल एक इतिहास जावन गेल्या. हे विधान खंयच्या पाठांतलें.** **(1)**

A. आमचो वावर आनी आमचे जमनीची गिरेस्तकाय

**6) शिकोवन सवरुन ल्हानाचो व्हड केलो. हे विधान खंयच्या पाठांतलें.** **(1)**

D. हो वसो आयलो कसो?

**7) ताळो सामकोच सुकून आयला. हे विधान खंयच्या पाठांतलें.** **(1)**

B. चुकिल्ली वाट

**8) "तूं चलूंक लाग हांगासल्लो." हे विधान कोणें कोणाक म्हणलां.** **(1)**

A. बल्ब फोडपी तरणाटयान जाणटेल्याक म्हणलें.

**9) "एक भारतीय म्हूण तुका कितें दिसता?" हे विधान कोणें कोणाक म्हणलां.** **(1)**

D. भारतीय पत्रकारान कल्पनाक म्हणले.

**10) "साब, फोटो खिंचना है?" हें विधान कोणें कोणाक म्हणलां.** **(1)**

D. फोटोग्राफरान भोंवडेकाराक विचारलें.

**11) "आता रातूय बरीच जाल्या." हें विधान कोणें कोणाक म्हणलां.** **(1)**

C. राजनान हेलनान म्हणलें.

**12) शेतांत वावर केल्ल्यान भलायकेक कसलो फायदो जाता? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

C. कुडीक फावो ती कसरत मेळून भलायकी बरी उरता.

**13) हॉलंडांक सायकलीचो देश अशें कित्याक म्हणलां? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

B. हॉलंडाच्या रस्त्यांनी गाडयांपरस सायकली चड दिसतात.

**14) पुर्सो आनी गुरूजी रागारागान रामनाथागेर कित्याक आयले? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

C. तांकां निर्णय सांगपाचो आसलो.

docs.aglasem.com

aglasem.com

**15)** **बाबूमामान भागेल्याक केल्लो हुकूम आयकनाफुडें पणसाक कितें जालें? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

D. पणसाचे हात-पांय सामके लडलडले.

**16)** **ह्याच वेळार पारव्यां भिरें घोंटेरांक -------- वेंचता.** **(1)**

D. काडयो

**17)** **जिवीत भावा तुजें ----------- भरीन पिसो जावन भोंवशी.** **(1)**

D. कोडसाणेन

**18)** **आलतड तुका सोडटना रे --------- लागतालो.** **(1)**

A. दर्या

**19)** **मांय ती तुका चड मोगाची संवसारांत तिचेविण आसत आसा कसली? हया वळीचो योग्य अर्थ** **(1)**

A. मांय बगर संवसारांत दुसरें काय व्हड ना.

**20)** **पिकेवेल्या खर वतांत बागवता पिकीं शेतां. हया कवितेच्या वळीचो योग्य अर्थ** **(1)**

A. वतान शेत पिकतकूच ताची कणसां बागवतात.

**21)** **हे सर्व व्यापका मळबा म्हज्या समेस्त पेल्याक तूं तुजी उंचाय दी. हया कवितेच्या वळीचो योग्य अर्थ** **(1)**

B. मळबाभसेन आमी आमची कीर्त वाडोवया.

**22)** **फुडें फाटी कठीण घाटी आसली जरी रात. हया कवितेच्या वळीचो योग्य अर्थ** **(1)**

D. कसल्योय अडचणी आडखळी आयल्यो तरी.

**23)** **मनशाचें ध्येय कशें आसता? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

A. मनशाचें ध्येय लाख मोलाचें आसता.

**24)** **'तूं चल रे फुडें' ही कविता कोणें बरयल्या? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

B. ही कविता विजयाबाय सरमळकारान बरयल्या.

**25)** **आमी मांय मुखार कितें दाखोवंक जायना? हया प्रस्नाची योग्य जाप** **(1)**

C. आमचो गर्व अहंकार दाखोवंक जायना.

**26)** **शेतांत गोरवांचो हींड आसा. आडी मारिल्ल्या उतर वळखात** **(1)**

D. रासनाम

**27)** **रडप - हया उतराचे उरफाटो अर्थ** **(1)**

C. हांसप

**28)** **काळोख - हया उतराचे विशेशण रूप** **(1)**

B. काळखी

**29)** **घटसाण - हया उतराचे विशेशण रूप** **(1)**

A. घट

**30)** **गिरेस्त - हया उतराचे भावनाम रूप** **(1)**

D. गिरेस्तकाय

docs.aglasem.com

aglasem.com

**31)** **कोडू - हया उतराचे भावनाम रूप** **(1)**

B. कोडसाण

**32)** **आवय- बापूय <u>खूब कश्ट करून</u> भुरग्यांक वाडयतात. आडी मारिल्ल्या वाक्यप्रचाराचो अर्थ** **(1)**

C. रातीचे दीस करप

**33)** **अवनी त्या पसरकारा कडेन <u>झगडले.</u> आडी मारिल्ल्या वाक्यप्रचाराचो अर्थ** **(1)**

B. तोंडाक लागप

**34)** **कामेरें शेतांत काम करता. वाक्यांतले लिंग बदलात** **(1)**

C. मानाय शेतांत काम करता.

**35)** **म्हाका आंबो जाय. वाक्यांतले वचन बदलात** **(1)**

D. आमकां आंबे जाय.

**36)** **तूं मात ह्या भेसांत बरें दिसता. वाक्य न्हयकारी करात** **(1)**

B. तूं मात ह्या भेसांत वायट दिसना.

**37)** **शाबास! तुवें बेस बरी कविता म्हणली. अव्यय वळखात** **(1)**

C. उमाळी

**38)** **हीं कणसां व्हरात आनी देवाक ओंपात. अव्यय वळखात** **(1)**

C. जोड

**39)** **व्हाळांत लान बुरगे वाहवन वतालें. वाक्याचे शुध्दरूप** **(1)**

C. व्हाळांत ल्हान भुरगें व्हांवन वतालें

**40)** **न्हिदपाची हरियाणाच्या चाल लोकांमदी आंगणांत आसा रातचे. उतरांची योग्य मांडणी** **(1)**

B. हरियाणाच्या लोकांमदी रातचे आंगणांत न्हिदपाची चाल आसा.

*****************************************************************************************

docs.aglasem.com

aglasem.com

2022-23 अभ्यासक्रमाची विभागणी

यत्ता धावी          विशय - कोकणी ( तिसरी भास)

| पयली परिक्षा | गूण 20 | वेळ - एक वर | |
|---|---|---|---|
| गद्य | पद्य | व्याकरण | रचना |
| 1) चुकिल्ली वाट(3)<br>2) हांसते हॉलंड (3) | 1) मागणे (2)<br>2) काणी विज्मितांची (2) | 1) उतरांच्यो जाती(1)<br>2) उरफाटी उतरां(1)<br>3) भावनामा करात (1)<br>4) विशेशणा करात (1) | 1) निबंध(4)<br>2) अर्धकुटो संवाद (2) |
| वट्ट गूण -6 | वट्ट गूण- 4 | वट्ट गुण -4 | वट्ट गूण- 6 |

| दुसरी परिक्षा | गूण- 20 | वेळ एक वर | |
|---|---|---|---|
| गद्य | पद्य | व्याकरण | रचना |
| 1) अवकाश विरांगना कल्पना चावला(3)<br>2) आमचो वावर आनी आमच्या जमनीची गिरेस्तकाय(3) | 1) तुं चल रे फुडें(2)<br>2) मोगाळ मांय(2) | 1) अव्ययांचो वाक्यांत उपयोग(1)<br>2) वचन बदलप(1)<br>3) काळ बदलप(1)<br>4) लिंग बदलप(1) | 1) चीट(3)<br>2) काणी(3) |
| वट्ट गूण-6 | वट्ट गूण-4 | वट्ट गूण- 4 | वट्ट गूण-6 |

| पयली सत्र परिक्षा | गूण 40 | वेळ देड वर (1.30) | |
|---|---|---|---|
| गद्य | पद्य | व्याकरण | रचना |
| 1) चुकील्ली वाट(3)<br>2) हांसते हॉलंड(2)<br>3) अवकाशविरांगना कल्पना चावला(2)<br>4) आमचो वावर आनी आमच्या जमनीची गिरेस्तकाय(3)<br>5) बाबुमामालो पणस(2) | 1) मागणे(2)<br>2) काणी विज्मितांची (2)<br>3) तुं चल रे फुडें(3)<br>4) मोगाळ मांय(3) | 1) उतरांच्यो जाती(1)<br>2) उरफाटी उतरां(1)<br>3) विशेशणा करात(2)<br>4) भावनामा करात(2)<br>5) वाक्प्रचार(2)<br>6) लिंग बदलप(1)<br>7) वचन बदलप(1) | |

docs.aglasem.com

aglasem.com

| | | | |
|---|---|---|---|
| 6) हो वसो आयलो कसो (3) | | 8) हयकारी न्हयकारी वाक्यां(1)<br>9) अव्ययांचे प्रकार वळखप (2)<br>10) वाक्य शुध्दकरप(1)<br>11) वाक्यांची योग्य मांडणी करप(1) | |
| वट्ट गुण- 15 | वट्ट गुण-10 | वट्ट गुण- 15 | |

| दुसरी सत्र परिक्षा | गूण- 40 | वेळ देड वर (1.30) | |
|---|---|---|---|
| गद्य | पद्य | व्याकरण | रचना |
| 1) फाल्यांच्यान विडी बंद(2)<br>2) कर्तव्याचे मीस(3)<br>3) दो.फ्रांसीश्कु लुईस गॉमीश(2)<br>4) सैमिक अरिश्टां आनी आमी (2)<br>5) तूंच घरचो पूत(2)<br>6) शिगमो (2) | 1) सासणाच्या काळ वडाक(2)<br>2) आत्मो आमचो एक(2)<br>3) दर्याचे गीत(2)<br>4) चान्याचे राती(2) | 1) अव्ययांचो वाक्यांत उपयोग करात(1)<br>2) न्हयकारी हयकारी वाक्य(1)<br>3) वाक्य शुध्द करप(1)<br>4) आडी मारिल्या उतराची जात वळखप(1)<br>5) वचन बदलात(1)<br>6) काळ वळखात/काळ बदलात(1) | 1) निबंध(4)<br>वा<br>1) काणी (4)<br>2) चीट(4)<br>वा<br>2) उतारो वाचुन प्रश्नाच्यो जापो बरयात(4)<br>3) अर्धकुटो संवाद(3)<br>वा<br>3) दिल्या विशयाचेर संवाद बरयात(3)<br>4) अनुवाद करात(2) |
| वट्ट गूण 13 | वट्ट गुण- 8 | वट्ट गुण- 6 | वट्ट गुण-13 |

टीप- स्वाध्याय - दिल्या विशयाचेर स्वाध्याय तयार करप- 20 गूण.

पयली सत्र परिक्षा आनी दुसरी सत्र परिक्षा गोंय शालांत मंडळा मार्फत घेवपाक येतली. पयली मध्य सत्र आनी दुसरी मध्य सत्र परिक्षा आनी स्वाध्याय शाळानी घेवपाचो.

docs.aglasem.com

aglasem.com

Model Question Paper year 2022-23

Time – one and half hour Second – Term Konkani (T.L.)

सुचवण्यो- 1) दरेक प्रश्नाची जाप नव्या पानार सुरु करची

2) प्रश्न आनी उपप्रश्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे

3) सगळे प्रश्न सक्तीचे आसात

4) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे प्रश्नाचे वट्ट गूण धरचे

1,क) सकयल दिल्या पर्यायतले फाव तो पर्याय विधान मुखार जोडुन दिल्ली विधाना पुराय करुन बरयात 2

(अ) गोंयच्या लोकवेदात भारत देशातल्या सगळ्या ------------

1) धर्मांचो आस्पाव आसा.
2) राज्यांचो आस्पाव आसा
3) संस्कृतायांचो आस्पाव आसा.

(आ) एका काळार हें राश्ट्र -----------------------

1) काव्य,त्त्वगिन्यान आनी इतिहासाचे पाळणे आशिल्ले.

2) गणीत,विज्ञान आनी इतिहासाचे पाळणे आशिल्ले.

3) नाटक, संस्कृताय आनी इतिहासाचे पाळणे आशिल्ले.

(ख) सकयल दिल्ली विधाना कोणे कोणाक म्हणल्यात ती बरयात 2

(अ) मुखार घाट आसा,रान आसा,पावसा वा-यान अपघात जाव येता.

(आ) तुंआयज म-यांत आशचे अशें दिसता गो.

2. (क) सकयल दिल्या प्रश्नाच्यो जापो आठ ते धा उतरानी बरयात. 3

(अ) गोंयच्या लोकवेदाचेर खंयच्या राजवटींचो प्रभाव पडला?

(आ) दोतोर फ्रांसिस्कु लुईस गॉमिश हाका खयच्यो खयच्यो भासो येताल्यो?

(इ) सोनियाचो शाळेत कित्याक भौमान केलो?

(ख) सकयल दिल्या खंयच्यात दोन प्रश्नाच्यो जापो 25-30 उतरानी बरयात. 6

docs.aglasem.com
aglasem.com

(अ) पाद्री सायमनान आपलें पयलें मीस कशें भेटयलें?

(आ) प्रणितान धुव जावनय आपल्या घराब्याचो सांबाळ कसो केलो?

(इ) आपल्याक कॅसर जाला हो विचार मनात येतकच बरोवप्याची अवतिकाय कितें जाली?

3.(क) सकयल ब गटांत कवितेची कडवी दिल्यात आनी भ गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्यां दिल्यांत त्या त्या कडव्या मुखार अर्थ बरोवन वाक्यां जुळयात. 2

| ब | भ |
|---|---|
| अ) तरां तरांची धर्मनिष्ठा<br>तरां तरांच्यो भासो<br>सर्वधर्म समभाव | 1) आमच्या जिणेत सदांच सुकती भरती येता<br>2) आमच्या देशात वेगवेगळ्या धर्मांचे आनी वेगवेगळ्यो भासा उलोवपी लोक एकवटान रावतात. |
| आ) सुकती रे भरती रे<br>जिणेची रीत रे | 3) हागा सगळे धर्म आनी भासो मानतात.<br>4) आमच्या जिणेत सुख तशेच दुख येता. |

(ख) सकयल दिल्या कवितेच्या वळीतल्यो रित्यो सुवाती कंवसात दिल्या फावो त्या उतरानी भरुन वळी परत बरयात. 2

अ) जिवीताची रीत --------- ग़ीत. ( सपनाचे, माणुसकेचें , संस्कृतायेचे)

आ) पांडवांची --------हांगा झुजामळार झुजली.( तांक, शक्त, उर्बा)

4. क) सकयल दिल्या प्रश्नाच्यो जापो 8 ते 10 उतरानी बरयात. 2

अ) आमी कशे तरेन नाचुंया गावंया अशे कवी भैंब्रे म्हणतात?

आ) वडाच्या जिणेचो थाव लागना अशें कवी कित्याक म्हणता?

ख) सकयल दिल्या खंयच्याय एका प्रश्नाची जाप 15 ते 20 उतरानी बरयात. 2

अ) तारयाची जीण कवीन कशी चित्रायला?

आ) कवी प्रकाश पाडगांकर वडाकडेन कसली मागणी करता?

5. क) सकयल दिल्लीं खंयचेय एक अव्ययां वापरुन वाक्य घडोवन बरयात 1

अ) आनी

आ) खातीर

इ) शाब्बास

docs.aglasem.com
aglasem.com

ख) सकयल दिल्या वाक्यांनी कंवसात दिल्या सुचवणे प्रमाणे बदल करुन बरयात. 5

अ) रमेश बरो भुरगो.( न्हयकारी वाक्य करात)

आ) तो अभ्यास करतालो. ( वचन बदलुन बरयात)

इ) हांव अभ्यास करतलों . ( भूतकाळांत बदलात)

उ) माका थान लागल्या. ( वाक्य शुध्द करुन बरयात)

ऊ) दर्याची देग व्हड गोयांत शक्यताय आशिल्यान वादळाची चड.( उतरांची योग्य मांडणी करात)

6. क) सकयल दिल्लो संवाद पुराय करुन बरयात. 3

विनोद: आरे प्रशाल, हांगा हॉस्पिटलात सो? आनी इतल्या घाईघाईन खंय वता?

प्रशाल: ---------------------------------------------------

विनोद: कितें जाले रे आवयक? तुमगेर आयिल्लो तेन्ना मेळिल्ली म्हाका.

प्रशाल: ----------------------------------------------------

विनोद: दोतोर कितें सांगतात तर?

प्रशाल: --------------------------------------------------------

वा

क) म्हारगायेचेर सिता आनी गिता हांच्या मदी जाल्लो संवाद स वळीनी बरयात. 3

ख) सकयल दिल्ल्यो वळी वाचुन कोकणीत अणकार करात . 2.

Your life has purpose and your dreams count. Your voice matters and you are born to make an Impact.

7.क) सकयल दिल्लो उतारो वाचुन प्रश्नाच्यो जापो बरयात.

मनशाची जीण घडोवपाक आनी फुलोवपाक धार्मिक उत्सव गरजेचे जावन आसात. प्रत्येक धर्माचे लोक आपले उत्सव मोठया दबाज्यान मनयतात.उत्सव म्हणल्यार फक्त खोशयेचो,मौजमजा करपाचो,खावपा-जेवपाचो दीस न्हय. उत्सव म्हणल्यार कुटुंबाक,समाजाक शिकोवपाचो,एकवट हाडपाचो आनी भावकी वाढवपाचो दीस जावन आसा. उत्सवा फाटल्यान त्या उत्सवाचो हेतु कितें? त्या सणाचे महत्व कितें?आनी त्या उत्सवाचे सांस्कृतीक दायज आनी इतिहास कितें? हे जण एकल्यान जाणुन घेवपाक जाय. हातुतल्यान बरो सुज्ञ समाज घडुंक पावतलो आनी धर्मिक एकचार टिगुन उरतलो. हेरांविशीचे वायट विचार, गैरसमज आनी कुस्केपण ना जावक पावतले.

अ) मनशाची जीण फुलोवपाक कितें गरजेचे? 1

आ) उत्सव म्हणल्यार कितें? 1

docs.aglasem.com

aglasem.com

इ) उत्सवातल्यान आमी कितें शिकुंक जाय? 1

ई) उत्सवाचे कसले फायदे आसात? 1

वा

क) तुं विनय/विमला सावंत देसाई,रावता घर.न.103. कोपेला भाट,आंबावली,केपें, गोंय या नाम्यार तुज्या धाकटया भावाक, वेळाचे महत्व सांगपी चीट बरयता. 4

8. क) सकयल दिल्या मुद्दयांच्या आदारान योग्य माथाळो दिवन काणी बरयात. 4

एक मस्ती भुरगो ------- सदांच गावच्या लोकांक त्रास दिवपाक फुडें.-------------- दुस-याची फकाणा करपाक मौज दिसप ---------- आवय बापुय कामा निमतान दिसभर घराभायर आसाप--------- एक दिस शेजा-यांची फकाणा करपाची उमेद जावप ---------- चोर चोर म्हण मोठयान आड्डवप ---------- सगळी शेजारी त्या भुरग्याच्या घराकडेन जमप------------- फटयलें फटयलें म्हणत भुरगो नाचुक लागप ---------- शेजारी मुकाटयान घरा वचप --------- दोन तीन फावट अशेच करप -------- शेजारी बाबडी फटवप ------------ एक दिस खरेच चोर चोरानी सगले चोरुन व्हरप --------- देख.

वा.

क) सकयल दिल्या खंयच्याय एका विशयाचेर 80 ते 100 उतरांनी निबंध बरयात. 4

क) सत्रेची आपजीण.

ख) दर्या वेळेर एक सांज

ग) शिक्षणाचे महत्व

समाप्त-

Answer key for Model Question Paper year 2022-23

Time – one and half hour Second – Term Konkani (T.L.)

---

सुचवण्यो- 1) दरेक प्रश्नाची जाप नव्या पानार सुरु करची

2) प्रश्न आनी उपप्रश्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे

3) सगळे प्रश्न सक्तीचे आसात

4) उजवे वटेन बरयल्ले आंकडे प्रश्नाचे वट्ट गूण धरचे

docs.aglasem.com

aglasem.com

1,क . फाव तो पर्याय जोडुन विधान पुराय केल्यार एक

(अ) 3) संस्कृतायांचो आस्पाव आसा. 1

(आ) 1) काव्य,त्त्वगिन्यान आनी इतिहासाचे पाळणे आशिल्ले. 1

(ख) कोणे म्हणले ते बरोबर आसल्यार अर्धो गुण कोणाक म्हणला ताका अर्धो गुण

(अ) आप सेवकानी उषाच्या घरच्यांक म्हणले. 1

(आ) केशवान प्रणिताक म्हणले. 1

2. (क) अचुक जापेक एक गुण दिवचो

(अ) गोंयच्या लोकवेदाचेर चालुक्य, भोज,सातवाहन,कदंब,मराठे आनी पुर्तुगेज राजवटींचो प्रभाव पडला. 1

(आ) दोतोर फ्रांसिस्कु लुईस गॉमिश हाका पुर्तुगेज,फ्रेंच,इटालियन, लेटीन,इग्लीश, कोकणी आनी मराठी भासो येताल्यो. 1

(इ) सोनियान समयसुचकता दाखोवन रेल्वेचो अपघात जावपाचो तो वाटयल्लो म्हण ताचो शाळेत भौमान केलो.

(ख) जापेचे मुद्दे,भाशा शैली, भाशाशुध्द,विराम चिन्हा अचुक आसल्यार दर एका जापेक गुण दिवचे.

(अ) पाद्री सायमनान खेरीद भाशेन पयले मीस भेटयले. ताणे एका बांयत बुडपी भुरग्याचो जीव साल्वार केल्लो. सायमनान देवाचे म्हणणे आनी आपले कर्तुब ख-यापणान करुन दाखयले. 3

(आ) प्रणिताचो बापुय हातरुणार पडिल्लो.भाव तवनास जावन वा-यार पडिल्लो.प्रणितान आपल्या घराब्याची जबाबदारी घेतली. आवय बापायची सेवा करप, घरची सगळी कामा तेच करताले. ते नोकरीय करुन आपल्या सेवा करताले. 3

इ) बरोवप्याक विडयेचे व्यसन आशिल्ले. बरोवप्याक आपल्याक विडयेच्या व्यसनाक लागुन कॅसर जाला असो दुबाव येवपाक लागलो. ताका आपल्या भितर कॅसराची लक्षणा दिसपाक लागली. गळो सुजला,ताळो खरपता अशे दिसपाल लागले ताला मरणाची भिरांत दिसपाक लागली. 3

3.(क) अचुक जोडयो जुळयल्यार पुर्ण गुण दिवचो

इ) 2) आमच्या देशात वेगवेगळ्या धर्माचे आनी वेगवेगळ्यो भासा उलोवपी लोक एकवटान रावतात 1

आ0 4) आमच्या जिणेत सुख तशेच दुख येता. 1

(ख) फाव ते उतर घालुन वाक्य पुराय केल्यार पुर्ण गुण दिवचो

docs.aglasem.com
aglasem.com

अ) माणुसकेचें 1

आ) शक्त 1

4. क) जाप अचुक आनी पुर्ण आसल्यार दरएके जापेक पुर्ण गुण दिवचो

अ) आमी चान्याचे राती,सारयल्या मांडार घुमटाच्या तालार हातांत हात घालुन नाचुया,गांवुया अशे कवी म्हणता. 1

आ) वड शेकडयानी वर्सा जगता, वडाच्या जीणेचो आनी अनुभवाचो अदमास लागना म्हण कवी वडाच्या जिणेचो थाव लागना अशें म्हणता. 1

ख) जाप अचुक आनी पुर्ण आसल्यार दरएके जापेक पुर्ण गुण दिवचो.

अ) तारयाची जीण आडमेळ्यानी आनी आडखळ्यानी भरला.तारयाच्या जिण म्हणल्यार सरये वेलो नाच कसो.केन्ना मरणाचे पास आवळत हे सांगुक न्हजो. तारयाची जीणेत संघर्ष आसा. 2

आ) कवी प्रकाश पाडगांकर जाणा की वड अनेक वर्सा जगता.वडान जायते किते पळयला आनी फुडेय पळयतलो.कवी आपले एक गीत फुडल्या पिळगेकडेन पावोवपा खातीर वडाच्या पानार बरोवन दवरुक सोदता. 2

5. क) अव्ययाचो योग्य तरेन वापर करुन अचुक वाक्य बरयल्यार एक गुण्. दिवचो 1

ख) कंवसात दिल्या सुचवणे प्रमाणे अचुक जाप बरयल्यार प्रत्येकी एक गुण दिवचो

अ) रमेश वायट भुरगो न्हय. 1

आ) ते अभ्यास करतले. 1

इ) हांवे अभ्यास केलो . 1

उ) म्हाका तान लागल्या. 1

ऊ) गोयांत दर्याची व्हड देग आशिल्यान वादळाची शक्यताय चड. 1

6. क) संवाद पळोवन गुण दिवचे. 3

प्रशाल: म्हजी आईक हॉस्पिटलात भरती केल्या.

प्रशाल: ती अचानक घुंवळ येवन बेसुद पडली.

प्रशाल: दोतोर म्हणता भिवपाची गरज ना मात कांय टेस्ट करतकच समजतले.

वा

क) भाशाशैली,शुध्दी,विरामचिन्हा हाचो विचार करुन गुण दिवचे. 3

docs.aglasem.com

aglasem.com

ख) अणकार अचुक आसल्यार पुर्ण गुण दिवचे. 2.

7.क) जाप पुर्ण आनी अचुक आसल्यार दर जापेक एक गुण दिवचो.

उ) मनशाची जीण फुलोवपाक धार्मिक उत्सव मनवप गरजेचे आसा. 1

ऊ) उत्सव म्हणल्यार कुटुंबाक,समाजाक शिकोवपाचो भावकी वाडवपाचो आनी एकवट हाडपाचो दबाजो. 1

ऋ) उत्सवातल्यान आमी ताचे महत्व,इतिहास,हेतु,सांस्कृतिक दायज समजुन घेवपाक जाय. 1

ऌ) उत्सवातल्यान सुज्ञ समाज घडता आनी धार्मिक एकचार टिकता वायट विचार आनी गैर समज पयस जातात. 1

वा

क) चीट बरयतल्यालो नामो,तारीक, कोणाक धाडता ताचे नाव,विशयाची मांडावळ,भाशा,शैली, चीटीची सुरवात आनी अंत, नेम पाळुन चीट बरयला त्या प्रमाणे गुण दिवचे. 4

8. क) काणयेचे नाव, काणयेचो विस्तार,भाशाशैली,वाक्प्रचार,म्हणीचो आसपाव,देख. 4

वा.

ख) निबंदाची सुरवात,विशयाची मांडावळ,भाशाशैली, शुध्दभास,वाक्प्रचार म्हणीचो वापर,शेवट या प्रमाणे गुण दिवचे. 4

समाप्त-

docs.aglasem.com

aglasem.com

docs.aglasem.com
aglasem.com